**केंद्रीय जल आयोगाच्या एकतर्फी निर्णयाचेर शिरोडकराचो आक्षेप**

**केंद्रीय जलशक्ती मंत्र्याक निवेदन भेटयले**

ता. 5 जानेवारी 2023

गोंय राज्याचे उदकास्त्रोत मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर हांणी केंद्रीय जल आयोगान कर्नाटक राज्याक म्हादय न्हंयचे उदक वळोवपाक दिल्ल्या तांत्रिक मंजुरीच्या एकतर्फी निर्णयाचेर आक्षेप घेवन केंद्रीय जल शक्ती मंत्री श्री. गजेंद्रसिंह शेखावत हांका कर्नाटक राज्याक केंद्रीय जल आयोगान म्हादय न्हंयचे उदक वळोवपाक दिल्ली तांत्रिक मंजुरी फाटीं घेवपाची मागणी करपी निवेदन भेटयले. श्री. शिरोडकर हांणी आयज भोपाल, मध्य प्रदेश हांगा "Water Vision @ 2047" ह्या राज्य मंत्र्याच्या परिशदेत केंद्रीय जल शक्ती मंत्री श्री. गजेंद्रसिंह शेखावत हांची भेट घेवन तांका हे निवेदन भेटयले.

श्री. सुभाष शिरोडकर हांणी आपल्या निवेदनात केंद्रीय जल आयोगाच्या एकतर्फी निर्णयाचेर आक्षेप घेवन आयोगाचो निर्णय गोंयचेर अन्याय करपी, पक्षपाती आनी नैसर्गीक न्यायाच्या विरोधात आशिल्ल्याचे म्हणला. तशेंच सर्वोच्च न्यायालयात हे प्रकरण न्यायप्रविश्ट आसा आनी गोंय राज्यान सगळ्या मंचाचेर ताका विरोध केल्लो आसा. गोंय राज्याच्या सहमती बगर आयोगान ही तांत्रिक मंजुरी दिल्ली आसा. श्री. शिरोडकर हांणी आपल्या निवेदनातल्यान केंद्रीय जल आयोगान कर्नाटक राज्याक म्हादय न्हंयचे उदक वळोवपाक दिल्ली तांत्रिक मंजुरी तत्काळ फाटीं घेवपाची मागणी केंद्रीय जल शक्ती मंत्र्याकडेन केल्या.

म्हादय न्हंयचे उदक वळयत जाल्यार जलसुरक्षा, पर्यावणातली खारसाण, उदकाचो समतोल आनी जीवसृश्टीचेर परिणाम जातलो आनी त्या खातीर कर्नाटक राज्याक म्हादय न्हंयचे उदक वळोवपाक दिल्ली तांत्रिक मंजुरी तत्काळ फाटीं घेवपाची मागणी केल्या.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2023/26

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.